6 April 2025 सकाळी - 8.40

## आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं

### मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी श्रीलंकेचे राष्ट्रपती अनुरा कुमार डिसा-नायके आयज, अनुराधा-पुरा हांगा, रेल्वे प्रकल्पांचो शुभारंभ करतले.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज तमिळनाडूंत, नव्या पांबन पुलाचें उक्तावण करतले.
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी, वक्फ दुरुस्ती विधेयकाक मान्यताय दिल्या.
- केंद्रीय घर मंत्री अमित शाह आयज सावन, जम्मू-काश्मीराक 3 दिसांची भेट दिवन, सुरक्षा परिस्थितीचो नियाळ घेवले आनी सुरक्षा कर्मचाऱ्यांकडेन संवाद सादतले.
- आयज देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी, राम नवमी व्हडा धर्मीक उमेदीन मनयतात.
- ब्राझीलांत जाल्ल्या संवसारीक बॉक्सिंग कप सर्तींत, भारताच्या हितेश गुलियान, भांगरा पदक जिखला.

-------------------------------

### पीएम रेल्वे प्रकल्प

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी श्रीलंकेचो राष्ट्रपती अनुरा कुमार डिसानायके आयज सकाळीं, श्रीलंकेच्या इतिहासीक शार अनुराधापुरा हांगा, भारताच्या आदारान रेल्वे प्रकल्पांचें संयुक्त उक्तावण करतले. ह्या प्रकल्पांक लागून जुंव्याच्या उत्तर भागांतल्यान, राजधानी कोलंबो मेरेन श्रीलंके भितर सुरक्षीत आनी विनाशिल जोडणी मेळटा. तशेंच प्रधानमंत्री मोदी जय श्री महा बोधी देवळांत आशीर्वाद घेतले. प्रधानमंत्री मोदी हांची श्रीलंका भेट, ही इतिहासीक थारता. आपल्या

भाशणांत जाहीर केल्ले प्रमाण प्रधानमंत्री  मोदी, आनी श्रीलंकेचो राष्ट्रपती अनुरा कुमार डिसानायके अनुराधापुरांत खूब प्रतीक्षीत आशिल्ल्या 'महो-ओमंथाई' रेल्वे मार्गाचें उक्तावण करतले. भारताच्या पालवान विकसीत केल्लो , 91.27 दशलक्ष डॉलराचो, हो रेल्वे मार्ग ह्या जुंव्यावयल्या राश्ट्राच्या उत्तर भागाक, राजधानी कोलंबोकडेन जोडटली. प्रादेशिक जोडणी आनी अर्थीक वाड वाडोवपाचें उतर दिता. प्रधानमंत्री मोदी हांच्या ह्या भेटींतल्यान भारत-श्रीलंकेच्या द्विपक्षीय संबंदांक खूब बळगें मेळ्ळां.  ताका लागून रणनिती, अर्थीक आनी संस्कृतीक सहकार्याक वाड मेळ्ळां. प्रधानमंत्री मोदी हांची, तीन दिसांची श्रीलंकेची भोंवडी आयज सोंपतली.

------------------------------

पीएम तामिळनाडू -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज राम नवमीच्या शुभ दिसा निमतान तमिळनाडूंत, रामेश्वरमाक मुखेल भुंय कडेन जोडपी, नव्या पंबन रेल्वे पुलाचें उक्तावण करतले. वास्तुशिल्पाची अदभूतताय आशिल्लो, हो रेल्वे पूल दोन किलोमीटर मेरेन पातळिल्लो, देशांतलो पयलो vertical lift sea bridge आसतलो. शेजारच्या जुंव्यावयल्या श्रीलंकेंतल्यान, आयज दनपारां प्रधानमंत्री येतले.

------------------------------

REV. PREZ - WAQF BILL - 50

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी वक्फ दुरुस्ती विधेयकाक मान्यताय दिल्या.  आतां हें विधेयक कायदो जाला. संसदेन ह्या सप्तकांत हें विधेयक संमत केलें. लोकसभेत या विधेयकाच्या बाजून २८८ तर विरोधात २३२ मता पडली. राज्यसभेत १२८ वांगड्यानी  ताच्या  बाजून मतदान केले तर ९५ वांगड्यानी विरोधात मतदान केले. राष्ट्रपतिन  मुसलमान वक्फ निरसन विधेयक, 2025क संमती दिल्या.

------------------------------

**अमित शाह जेके -**

**केंद्रीय घर मंत्री अमित शाह आयज सावन, जम्मू-काश्मीराक 3 दिसांची भेट दिवन, सुरक्षा परिस्थितीचो नियाळ घेवले आनी सुरक्षा कर्मचाऱ्यां कडेन संवाद सादतले. शाह आपल्या 3 दिसांच्या भेटी वेळार, जम्मूंतल्या भाजपा आमदारांक मेळटले. ते भायर युनिफाइड मुख्यालय आणि श्री अमरनाथ वर्सुकी यात्रेच्या दोन वेगवेगळ्या म्हत्वाच्या सुरक्षा नियाळ बसकांचे, अध्यक्षपद सामळतले. मजगती, मंत्री अमित शाह आयज दनपारां जम्मू पावतले आनी सध्याच्या सरकाराच्या पयल्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनांत, विधानसभेंतल्या कामगिरीचो नियाळ घेवपा खातीर सांजे भाजपाच्या 28 आमदारांची भेट घेतले.**

---

**Ram Navami -**

**आयज देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी, राम नवमी व्हडा धर्मीक उर्बे उमेदीन मनयतात. ह्या उत्सवांत विष्णुचो सातवो अवतार, भगवान रामाचो जल्म जाता. चैत्र म्हयन्याच्या णवव्या दिसा, राम नवमी मनयतात. रामनवमी पयलीं हिंदू लोक, उत्सवा पयलीं णव दीस, नवरात्रिचो उपास करतात.**

---

**राष्ट्रपती स्लोव्हाकिया -**

**राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, फाल्यां सावन ह्या म्हयन्याचे 10 तारखे मेरेन, पोर्तुगाल आनी स्लोव्हाकिया च्या भोंवडेर वतल्यो. पोर्तुगालाक भेट दितना, राष्ट्रपती मुर्मू आपले समकक्ष राष्ट्रपती मार्सेलो रेबेलो द सौसा हांची भेट घेतल्यो आनी प्रतिनिधी पावड्यार उलोवणी करतल्यो. तशेंच पोर्तुगालाचे प्रधानमंत्री लुईस मोन्ते-नीग्रो आनी राष्ट्रीय सभेचे अध्यक्ष जोसेफ पेद्रू आगियर-ब्रांको हांची भेट**

घेतल्यो. उपरांत, स्लोव्हाकियांत राष्ट्रपती मुर्मू स्लोव्हाकियाचे राष्ट्रपती पीटर पेलेग्रीनी आनी प्रधानमंत्री रॉबर्ट फिको हांचे वांगडा द्विपक्षीय बसका घेतल्यो.

------------------------------

Sitharaman Chennai – 70

'एक राष्ट्र, एक निवडणूक' पद्दत चालीक लायल्यार भारताचो विकास दर दीड टक्क्यांनी वाढतलो, अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां. काल चेन्नयांत परिसंवादांत उलयतना तांणी सांगलें, हाका लागून देशाचे सकल देशांतर्गत उत्पादन (जीडीपी) ४.५ लाख कोटी रुपयांनी वाडतले. एकाच वेळार वेंचणूक घेतल्यार १२ हजार कोटी रुपया वाचतले आनी मतदानाची टक्केवारीय वाडटली अशें सीतारमण हांणी सांगलें. अर्थमंत्र्यांनी स्पष्ट केले की राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू २०२९ उपरांतच एकाच वेळार वेंचणूक घेवपाची प्रक्रिया सुरू करतल्यो.

------------------------------

बीजेपी -

भारतीय जनता पार्टी, आयज आपलो स्थापणूक दीस मनयता. ह्या निमतान भाजपाचे अध्यक्ष आनी केंद्रीय मंत्री जे. पी. नड्डा नवी दिल्लींतल्या भाजपाच्या मुखेल कार्यालयांत, पक्षाचो ध्वज उबारतले. मंत्री नड्डा ह्या संदर्भात, पार्टीच्या बूथ कार्यकर्त्यां कडेनय, संवाद सादतले. भाजपा अध्यक्ष, राष्ट्रीय राजधानींतल्या एका म्हालगड्या पक्ष कार्यकर्त्याच्या घराय आयज भेट दितले. मजगती, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी भाजपा अध्यक्ष जे. पी. नड्डा हाणी भारतीय जनता पार्टीच्या, 45व्या स्थापणूक दिसानिमतान, पार्टी कार्यकर्त्यांक परबी दिल्या.

------------------------------

Waves – 65

माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाच्या सहकार्यान, मीडिया एंटरटेनमेंट असोसिएशन ऑफ इंडिया, तरणाटे कलाकार आणि मीडिया व्यावसायिकां खातीर WAM

(WAVES Anime & Manga Contest) आयोजित करता, जाचो उद्देश निर्मात्यांखातीर अर्थव्यवस्था वाढवप हो आसा. तळागाळांतल्या पांवड्यार प्रतिभा सोदप, ताची उदरगत करप, आनी ह्या कलाकारां खातीर वेवसायीक मुळावी बांदावळ तयार करप हें हे सर्तीचें ध्येय आसा. ही सर्त भारतभर वेगवेगळ्या शारांनी जाता. चेन्नय हांगा हे खेपे सर्त आयोजीत केल्ली.

------------------------------

संवसारीक मुष्टियुध्द कप -

बॉक्सिंगात, आयज सकाळीं ब्राझीलांतल्या फोझ दो इगु-आसू हांगा जाल्ल्या, संवसारीक बॉक्सिंग कप सर्तींत, भारताच्या हितेश गुलियान, दादल्यांच्या 70 किलो गटात भांगरा पदक जिखला. ह्या भारतीय खेळगड्यान फायनलींत, इंग्लंडाच्या ओडेल कमाराक हारयलो. मजगतीं, दादल्यांच्या 65 किलो गटात आयज, आनीक एक भारतीय खेळगडो अभिनश जमवाल हाणें रुप्या पदक जिखलें. ताचे आदीं काल, दादल्यांच्या 55 किलो सर्तींत, भारताचो मनीष राठौर हाणें कांस्य पदक जिखलें.

------------------------------

IPL – 160

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत काल रातीं चंडीगढांतल्या महाराजा यादविंद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत जाल्ल्या खेळांत राजस्थान रॉयल्सान पंजाब किंग्साक 50 धांवड्यांनी हारयलो. पयली बॅटींग करतना राजस्थानान निर्धारित 20 ओव्हरींनी 4 विकेटी व्हगडावन वट्ट 205 धांवड्यो केल्यो. राजस्थाना खातीर यशस्वी जायसवालांन 45 बॉलांनी 67 धांवड्यो केल्यो. पंजाबा खातीर लॉकी फर्ग्युसनान दोन विकेटी घेतल्यो. ताका जाप दितना पंजाब किंग्साक 20 ओव्हरींनी 9 विकेटी व्हगडावन 155 धांवड्यो करप शक्य जाल्यो. काल आदीं जाल्ले आनीक एका मॅचींत दिल्ली कॅपिटल्सान चेन्नयच्या एम.ए.चिदंबरम स्टेडियमांत चेन्नय सुपर किंग्साक 25 धांवड्यांनी हारयलो. 184 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करतना चेन्नय सुपर किंग्साक

**निर्धारित 20 ओव्हरींनी 5 विकेटी व्हगडावन 158 धांवड्यो करपाक येस मेळे. आयज सांजवेळार हैदराबादांत सनरायझर्स हैदराबाद आनी गुजरात टायटन्स हांचे मदीं खेळ जातलो. सांजवेळा 7:30 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा.**

--------------------------------